Panaji National 27th July 2025 6.30pm

MKB – 365

एकविसाव्या  शेंकड्यांतल्या भारतांत विज्ञान नव्या उर्जेन मुखार वता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हळां. आकाशवाणीवेल्या मन की बात कार्यावळींत राष्ट्राक संबोधीत करतना  मोदी हांणी भारतीय वायुसेना गटाचे कॅप्टन शुभंशु शुक्ला अंतरिक्षांतल्यान परत आयल्ल्या  विशीं उलयले. तांणी नमूद केले की भारतीय अंतराळवीर पृथ्वीचेर सुरक्षित परत येतकिर आनंदाची लाट उसळली आनी पुराय देशाक अभिमान जालो.

युनेस्कोन 12 मराठा किल्ल्यांक संवसारीक दायज स्थळ म्हूण जाहीर केल्ल्या खातीर प्रधानमंत्र्यानि अभिमान व्यक्त केलो. तातूंतले ११ किल्ले महाराष्ट्रांत आनी १ किल्लो तमिळनाडूंत आसा.मोगलांचो पराभव जाल्ल्या सल्हेर किल्ल्यासावन छत्रपती शिवाजी महाराजाचो जल्म जाल्ल्या शिवनेरी किल्ल्यामेरेन दर एका किल्ल्याचो गिरेस्त इतिहास आसा अशें प्रधानमंत्र्यांनी विस्तारान सांगलें.

७ ऑगस्ट १९०५ सावन सुरू जाल्ले स्वदेशी चळवळीविशीं प्रधानमंत्री उलयले. ह्या चळवळीक लागून थळाव्या उत्पादनांक आनी खास करून हातमागाच्या क्षेत्राक नवी उर्जा मेळ्ळी. हाच्या उगडासात देश दर वर्सा 7 ऑगस्टाक राश्ट्रीय हातमाग दीस मनयतात. मोदी हांणी सांगलें की ह्या वर्सा राष्ट्रीय हातमाग दिसाक 10 वर्सां पुराय जातात.

वस्त्रोद्याग क्षेत्र भारता खातीर फकत अर्थीक क्षेत्र न्हय, तर आमच्या संस्कृतीक विविधतायेचें एक उदाहरण अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें. आज वस्त्रोद्याग आणि तयार कपड्यांची बाजारपेठ नेटान वाडत आसा ह्या

खातीर तांणी खोस उक्तायली. सध्या देशांत तीन हजारां परस चड कापड स्टार्टअप सक्रीय आसात अशे तांणी सांगले.

मन की बातांत प्रधानमंत्री लोकगीतां आनी परंपरेच्या विविधतायेचेरूय उलयले. सण आनी परंपरा हे भारतीय संस्कृतीचे एक मोठे आधारस्तंभ अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. वर्तमान आनी इतिहासाचें दस्तावेजीकरण करप म्हत्वाचें अशें तांणी म्हळें.

अमेरिकेंत जाल्ल्या वर्ल्ड पुलिस आनी  फायर गेम्सत भारतान सुमार सशें पदकां जिखून इतिहास रचलो, अशी घोषणा प्रधानमंत्र्यानी केली. संवसारभरांतले पुलीस, उजो पालोवपी दलाचे जवान आनी सुरक्षा कर्मचाऱ्यांनी हे सर्तींत वांटो घेतिल्लो आनी  71 देशां मदीं भारत पयल्या तीन देशां मदीं आशिल्लो.2029 वर्सा भारतांत हे खेळ आयोजीत करतले अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

स्वच्छ भारत मिशनाक बेगीनूच 11 वर्सां पुराय जातली ह्या खातीर प्रधानमंत्र्यानि समाधान उक्तायलें. हें मिशन एक जन आंदोलन जालां अशें तांणी सांगलें.

गोंयची राजधानी पणजी शाराक  स्वच्छ सर्वेक्षणावरवी राश्ट्रपती पुरस्कार फावो जाल्या खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज "मन की बात" ह्या कार्यावळीवरवी गोंयचे अभिनंदन केला. पणजे  शारात कोयराचे 16 प्रकारत विभागणी करून ताचो रितसर विल्हो लायतात, महत्वाचे म्हणल्यार पणजेच्या कोयर प्रकल्पात हे काम बायलो करतात अशे म्हणीत प्रधानमंत्री नरेंद मोद हांणी  ह्या बायलांची तुस्त केल्या.

Gujarat – 150

मुळाव्या साधनसुविधा आनी लॉजिस्टिकस क्षेत्रांत भारतांत अभूतपूर्व बदल घडटा आनी हो क्षेत्र देशाच्या अर्थीक उदरगती खातीर घटमूट बुन्याद घालता अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी सांगलां. सिंग हाणी  आयज वडोदरात गती शक्ती विद्यापिठाच्या तिसऱ्या दीक्षांत कार्यावळींत व्हर्च्युअल रित्या उलोवप केले.  मल्टीमोडल ट्रान्सपोर्ट हबची निर्मिती आणि मिशन मोड प्लॅनची अंमलबजावणी यासारख्या प्रकल्पांक लागून लॉजिस्टिकस खर्च खूब उणो जाला आनी डेटा आदारीत निर्णय घेवपाक चालना मेळ्ळ्या अशी म्हायती संरक्षण मंत्र्यानि दिली.

ह्या संदर्भार रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी फाटल्या 11 वर्सांत रेल्वेंत जे बदल घडल्यात त्या विशी माहिती दिली.

Mandviya – 60

केंद्रीय मंत्री डॉ.मनसुख मांडवीय हांणी देशांतल्या शिक्षणीक संस्थांच्या आधुनिकीकरणाचेर भर दिला. अहमदाबादांतल्या गुजरात विद्यापीठांत आयज  गुजरात नई तालीम संघ आमसभा, द्विवार्षिक सम्मेलन आनी राज्य पांवड्यावेली परिशदेत तांणी उलोवप केले.